Panaji National 21st September 2015 6.30pm

फुडले पिळगेच्यो  जीएसटी सुदारणा फाल्यां सावन नवरात्रेच्या पयल्या दिसा लागू जातल्यो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आयज सांजवेळार राष्ट्राक उद्देशून उलोवप करतना  मोदी हांणी सांगलें, फाल्यां सावन जीएसटी बचत उत्सव सुरू जातलो आनी लोकांक आपल्या आवडीच्यो वस्तू उण्या दरांत विकत्यो घेवंक मेळटल्यो. या सुधारणांक लागून देशाच्या विकासाची गाथा बदलतली आनी  तरणाटे, नवमध्यम वर्ग, शेतकार, बायलो, आनी उद्देजकांक ह्या बचट उत्सवाचो व्हड फायदो जातलो अशें तांणी सांगलें. राष्ट्राच्या उदरगतीच्या प्रवासांत दरेक राज्य एक समान भागीदार आसतलें हाचेर तांणी भर दिलो.फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां, बचत उत्सव आनी नवरात्रा खातीर तांणी राष्ट्राक परबीं दिली.
तांच्या सरकारान कर वेवस्था सोपी केल्या अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.
नागरिक देवो भवः ह्या मंत्रान आपलें सरकार मुखार वता अशें मोदी हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां अरुणाचल प्रदेश आनी त्रिपुराक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार ते ५,१०० कोटी रुपयांपेक्षा चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. मोदी अरुणाचल प्रदेशांत ३,७०० कोटी रुपयांपेक्षा चड मोलाच्या दोन मोठ्या जलविद्युत प्रकल्पांची बुन्याद घालतले. ह्या निमतान मोदी इटानगरांत भौशीक सुवाळ्यांत उलोवप करतले.
त्रिपुरांत प्रधानमंत्री तीर्थयात्रा पुनरुद्धार आनी आध्यात्मिक विरासत संवर्धन अभियान येवजणे खाला माटाबरींत माता त्रिपुरा सुंदरी देवूळ संकुलाच्या विकास कामाचे उक्तावण करतले.

फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन देशांतल्यान डाव्या विचारसरणीचो अतिरेक पुरायपणान सपुष्टात येतलो अशे केंट्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगला. खाजगी चॅनलाक दिल्ले मुलाखतींत शाह हाणी सांगले की सरकाराच्या यत्नाक लागून फाटल्या दशकांत ईशान्य आनी डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकी प्रभावित वाठारां सयत तीन मुखेल हॉटस्पॉट वाठारांनी हिंसाचाराच्यो घडणुको 75 टक्क्यांनी उण्यो जाल्यात. नरेद्र मोदी सरकाराच्या कामगिरीचो उल्लेख करतना गृहमंत्र्यांनी सांगलें 11 वसों परस उण्या काळांत सरकारान सुमार 60 कोटी लोकांक घरां, वीज, शौचालय, पिवपाचे उदक आनी ५ लाख रूपयांचो भलायकी विमो दिला.

फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांचो एक भाग म्हूण गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय गिरायक हेल्प लायनीचेर जीएसटी कागाळी निवारण सुविधा सुरू केल्या. सोमारा सावन लागू जावपी सुदारीत जीएसटी दर आनी सुट चालीक लायल्या उपरांत एकीकृत तक्रार निवारण यंत्रणा - INGRAM पोर्टलाचेर गिरायक कागाळींचो निराकरण सुरू केला अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां. या श्रेणीत ऑटोमोबाईल, बँकिंग, गिरायकपयोगी वस्तू, ई-कॉमर्स, FMCG आणि हेर प्रमुख उप-श्रेणींचो आस्पाव आसा जंय जीएसटी संबंदीत कागाळी नोंद जातली. आतां गिरायकांक टोल फ्री क्रमांक 1915 वा INGRAM पोर्टला वरवीं सतरा भाशांनी आपल्यो कागाळी नोंद करपाक मेळटात अशें मंत्रालयान सांगलां.

बिहाराचे राज्यपाल आरीफ मोहम्मद खान हांणी न्यायमूर्ती पी.बी. बजंतरी हांका पाटणा उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश म्हणून सोपूत दिलो. राजभवनांत जाल्ल्या सोपूत विधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री नीतीश कुमार, तांच्या मंत्रीमंडळांतले वांगडी, वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

फुडल्या दोन ते तीन दिसांत अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अस्तंत बंगालाचो गांगेय वाटार, छत्तीसगड, विदर्भा, ओडिशा ह्या वाठारांनी उटनगराचो पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फाल्यां मेरेन आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगना ह्या वाठारांनीय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. तशेंच ह्या सप्तकांत उत्तराखंड, उदेंत उत्तर प्रदेश, आनी उदेंत राजस्थानाचेर गडगड, वीज, आनी खर वारें येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

दुबयत आयज आशिया कप टी-20 क्रिकेटाच्या सुपर 4 च्या दुसऱ्या मॅचीत भारत पाकिस्ताना आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण राती 8 वरांचेर सुरू जातली. सर्तींतली ही दोनूय पंगडां मदली दुसरी मॅच आसतली.

चाइना मास्टर्स बॅडमिंटन सर्तींत दादल्यांच्या दोट्टी गटांत सात्विकसैराज रँकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी ह्या जोडयेन उपविजेतेपद मेळयलें. शेनझेनांत जाल्ल्या सर्तीच्या फायनलींत दक्षिण कोरियाच्या किम वॉन हो आनी सिओ सेंग

जे ह्या जोड्ये कडल्यान सरळ सेटन हार खावन भारतीय जोडयेक रुप्या पदकाचेर समाधान मानचे पडले.